**बुद्दिबळ ऑलिम्पियाड सर्त मशाल मिरवणूकीक 3 जुलयाक गोंयांत येवकार**

ता. 1  जुलय 2022

44 वी फिडे बुद्दिबळ ऑलिम्पियाड सर्त 28 जुलय ते 10 ऑगस्ट 2022 मेरेन चन्नई हांगा जातली. दोन वर्सांनी जावपी ही सर्त इंटरनॅशनल चॅस फॅडरेशनान आयोजीत केल्या.

बुद्दिबळ खेळाचे मूळ स्थान भारत आसून हो खेळ लोकप्रिय करपा खातीर भारतीय चॅस फॅडरेशनान भारत सरकाराच्या सहकार्यान मशाल रॅलीचे आयोजन केला. 19 जून 2022 दिसा प्रधानमंत्र्याहस्तुकीं मशाल रॅलीचो शुभारंभा जाला आनी आझादी का अमृत महोत्वाचो भाग म्हूण देशातल्या 75 शारांनी मशाल मिरवणूक भोंवडी आयोजीत केल्या.

फाल्या 2 जुलय 2022 दिसा ग्रॅण्डमास्टर अनुराग म्हामल ही मशाल घेवन गोंयांत पावतले. 3 जुलय 2022 दिसा फोंडेच्या राजीव कला मंदीरात गोंयचे खेळांमंत्री श्री. गोविंद गावडे हे मशाल रॅलीक येवकार दितले. उपरांत जावपी कार्यक्रमात नामनेच्या बुद्दिबळ खेळगड्यांचो सत्कार जातलो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/441

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji